वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय

कोंब मडगांव गोंय

पयली सत्र परीक्षा ऑक्टोबर 2025

यत्ता: बारावी

विशय: कोंकणी

वेळ: 3 वरां

तारीख: 07|10|2025

गूण: 80

---

सुचवण्यो:

1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .

2. प्रस्नांचें आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .

4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 ह्या प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. लाडूमामा लेखकागेर केन्ना येतालो? 1

2. बशींतल्या तरणाटयांची वृत्ती संस्कारहीण म्हणपाचें कारण कितें? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. वाजपा नादार ...... पळय 2

जाग्रणाची .......

(फुलराणी, रातराणी , क्षेमता, जागता)

4. बडयत बडयत ......... ताशे 2

हालयात रे ...... वाशे

( नवें, पोन्ने , घुमट , धोल)

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| ( i) सात जाण मावळयांलो भाचो | . श्री. प्रकाश पर्येकार | 1 |
| ( ii) वेळेवयली रेवेंघरां | . श्री. गूषण भावे | 1 |
| (iii) दिपकावणी | . श्री. महाबळेश्वर सैल | 1 |
| | . श्री. दामोदर मावजो | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयात:

6. 'हाड चेडवा बुडकुलो' कवितेंतलो मोगी लग्नाच्या संबंदान सैमाचेर आपले सोयरे धायरे, इश्टसांगाती म्हूण कसो भरवंसो दाखयता? 3

वा

कवीन होळये रातीचें वर्णन खंयच्या उतरांनी केला?

7. गोमटें गोंय कवितेंत कवी भारतीय संगीत आनी पाश्चात्य संगीत हांच्या सुरमेळांतल्यान कितें सांगूंक सोदता ? 3

वा

'आवज तूं येतलो देखून' हे कवितेंतली बायल मनशेची उमळशीक स्पश्ट करात .

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयात:

8. गोंयच्या चोंय दिकांतल्यान हजारांनी लोक मडगांवां कित्याक लोटलो ? 4

वा

दुयेंत दोतोराची मनाची अवस्था सूचकपणान दाखोवपी असो कथेतलो खंयचोय एक प्रसंग बरयात.

9. मिर्गार पावस पडटकच दिपकावणेक सांबाळून कित्याक भोंवचें पडटा ? 4

वा

जाण्टेपणांत मनशाक दुसऱ्याच्या आदाराविना जियेवप शक्य जायना ,अशें लेखकाक दिसपाचे कारण कितें?

सकयल दिल्ल्या पद्यांशांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. फोरसां चांफ्यार फुलांच फुलां
मागदेरिच्या केळी माथ्यालें
घडालें पिकून भांगर जालां.

वा

नाचता तालार ल्हारार ल्हारा
जुवारेचीं पांयजणां
वाजता सुरान एकतान
मांडवीची मांदोलीनां

सकयल दिल्ल्या विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. 'मामा देवळानळार जत्रेमाण येयल्यात?.'

वा

'खरें सांग ,समज हांव आविल्लो मुंबय ,कॅन्सर बरो जातलो आशिल्लो ?'

## विभाग ब (व्याकरण )

सकयल दिल्ली वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12 . वर्सान वर्स हें झगडें जाले बगर रावचे ना? (हयकारी करात) 1

13 . ४२तले क्रांतीतलो हिरो गोंयात पाविल्ल्याची खबर कशीच लिपून उरली ना . ( प्रस्नार्थी करात ) 1

14 . ताच्या (पांय) थरथर म्हाका जाणवलीच. (कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात ) 1

15 . उलयता उलयता हांव व्हांवलो. (भविश्यकाळांत करात ) 1

वा

आई म्हाका पेज वाडशी ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाकप्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16 . गोंय मुक्तीदिसाची कार्यावळ मनयतना विद्यार्थ्यांच्या आंगांत वीरश्री संचारली 1

17. एका गरीब मनशाची दुख्खाची खबर आयकून हांव अजापीत जाले. 1
( तटास जावप, तिडक येवप ,हड्डे पेटून येवप ,अनुमान काडप. )

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं उरफाटया अर्थाचीं उत्तरां बरयात.

18. चूक 1

19. आशा 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. पिडा 1

21. निर्दय 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. जाण्टो 1

23. जापसालदार 1

24. गंभीर 1

सकयल दिल्ल्या ओपारींचो अर्थ बरयात.

25. हुसको ना दुबळयांक ,न्हीद ना गिरेस्ताक 1

26. पांयाची व्हाण पांयाक बरी 1

27. हांगा न्हंय ,थंय बांय 1

वा

सूंब जळळें पूण पीळ वचना

सकयल कवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

28. घरांत जाण्टो मनीस आसता तेन्ना ल्हान भुरगयांचेर बरें लक्ष ......... जाण्टो मनीस नातरांक शिकोवपाच्या कामांत आदार दिवंक ....... ताच्या दीर्घ अणभवाचो लाब घरच्यांक सहजपणान मेळूं ...... जाण्टयांक घरची बरीं वागयतली, तेन्नाच तो हें काम बरे तरेन तडीक व्हरूंक ......

( पावप , येवप, जागप , शकप , येवप, उरप )

29. 'आमचे जिणेंत योगाचें म्हत्व' हया विशयाचेर शिक्षक/विद्यार्थ्या मदी जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. " सर्वोदया उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'पुस्तक प्रदर्शन ' सुवाळयाची आमंत्रण पत्रिका / आपोवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

मनशाक ज्ञान विज्ञान दिवपी ,ताजी विवेकशक्त जागोवपी ,ताजी बुद घांसून पुसून चकचकीत दवरपी साधन म्हणल्यार पुस्तक . एका काळार पुस्तक हे दुर्मिळ आसतालें. आज वाचनमंदिरां आनी पुस्तकांची दुकानां जळामळाक आशिल्ल्यान जाका पुस्तकां वाचपाचे आसा ताका तें सोंपेपणान मेळूं येता. अशें आसतनाय जर मनीस वाचूक आळस करता आसत जाल्यार ताका कर्मकट्टोच म्हणचे पडटले.

कांय लोक पुस्तकां सोबेची वस्त कशीं घरांतल्या आरमारींनी खेळणी आनी बावल्यो दवरतात तशीं दवरतात.त्या पुस्तकांक कोणूच हात लायनात .फक्त सोबेच्या वस्तूं सारकीं ती उरतात . एके भशेन असले लोक साहित्य बंदिस्त दवरपाचो गुन्यांव करतात.पुस्तकाचो खरो आनी बरो उपयोग म्हणल्यार तें वाचप . जितले चड लोक एक पुस्तक वाचतात तितलो पुस्तकाचो अदीक बरो उपयोग जाता. "गाढवाक गोडाची रूच खबर नासता " म्हणटात तशी पुस्तकां तशी पुस्तकां बंदिस्त दवरप्याक साहित्याची व्हडवीक खबर नासता .घरांत पुस्तकां आसुनूय जो वाचिना ताची गत गंगेतल्या फातरा भशेन आसता. लोक गंगेंत न्हावन पावन जातात. पूण त्या पात्रांतल्या फातरांच्या आंगा वयल्यान रात दीस गंगा व्हावली तरी ती ते फातरूच उरतात.

प्रस्नः

31. पुस्तकां सोंपेपणी खंय मेळूं येतात? 1
32. कांय लोक घरांत पुस्तकां कशीं दवरतात ? 1
33. पुस्तकां आरमारीत दवरिल्ल्यान कसलो गुन्यांव जाता ? 1
34. वयल्या उतान्यांत खंयचे म्हणीचो वापर केला? 1
35. उतान्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. प्रितेश/प्रिया शेटगांवकर घर क्र. २०१ , वडामळ, सावर्डे गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
| --- |
| बॅंक मॅनेजर<br>शिक्षणीक पात्रतायः . बी.कॉम<br>. संगणक विशयाचे गिन्यान<br>. कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः मुख्य अधिकारी<br>सारस्वत बॅंक<br>पणजी गोंय. |

37 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

. भारताच्या फुडाराविशीं म्हजें सपन
. हांव शिक्षक आशिल्लो जाल्यार
. बसीत एक वर
. हांव शेत उलयता

*****************